# उजो लागपाच्या घडणूकेची चवकशी करपा खातीर दंडाधिकारी चवकशी समिती स्थापन

ता. 8 डिसेंबर 2025

हडफड्यां हांगा रोमियो लेन हांगाच्या बर्च नाईट क्लबात घडिल्ल्या उजो लागपाच्या घडणूकेची चवकशी करपा खातीर सरकारान दंडाधिकारी चवकशी समिती स्थापन केल्या.

उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी आनी जिल्हा दंडाधिकारी श्री अंकित यादव, आयएएस हांच्या अध्यक्षते खाला स्थापन केल्ल्या समितीत दक्षीण गोंयचे एसपी श्री टिकम सिंग वर्मा, आयपीएस, फॉरेन्सिक सायन्सेस संचालनालयाचे संचालक श्री आशुतोष आपटे, अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे उपसंचालक श्री राजेंद्र ए. हळदणकर हांचो आस्पाव आसा.

ही समिती घडणूकेक कारणीभूत थारिल्ली कारणां, कायदेशीर परवान्यांची तपासणी, प्रतिबंधात्मक उपाय, मालक आनी हेर संबंदीत यंत्रणेची जापसालदारकी आनी हेर गजालींचे परिक्षण करून आपलो अहवाल दितली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/936

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.